Panaji National

26th March 2026 6.30pm

Govt LPG – 135

भारताची पेट्रोलियम आनी एलपीजी पुरवणेची स्थिती पुरायपणान सुरक्षीत आनी नियंत्रणांत आसा अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान परतून सांगलां. सगळ्या किरकोळ इंधन दुकानांनी फावो तो साठा आसा आनी देशांत खंयच पेट्रोल, डिझेल, एलपीजीचो उणाव ना अशें मंत्रालयान सांगलां. भारताक सध्या संवसारभरांतल्या आपल्या 41 परस चड पुरवणदारांकडल्यान कच्चें तेल मेळटा. दरेक भारतीय रिफायनरी शंबर टक्क्यां परस चड क्षमतेन चलता अशें मंत्रालयान सांगलां. भारता कडेन वट्ट 74 दिसांची राखीव क्षमता आसा, जाल्यार प्रत्यक्ष स्टॉक सध्या सुमार 60 दिसांचो आसा.

देशभर एलपीजीचो उणाव ना अशेंय मंत्रालयान सांगलां. देशांतर्गत रिफायनरी उत्पादन 40 टक्क्यांनी वाडयलां आनी एलपीजीचें दिसपट्टें उत्पादन 50,000 मेट्रीक टन जालां- जें देशाच्या गरजेच्या 60 टक्क्यां चड आसा. साठेबाजी आणि काळाबाजार आडावपाच्या उद्देशाने, राज्य सरकारां कडेन सल्लामसलत करून व्यावसायिक सिलिंडर्सच्या वाटपात ५० टक्क्यांनी वाढ केल्या.

Iran Hormuz – 100

इराणान भारत आनी चीन, रशिया ह्या सारक्या जायत्या इश्ट राश्ट्रांक होर्मुझ सामुद्रधुनीचो उपेग करपाची परवानगी दिल्या अशें इराणाचो परराश्ट्र मंत्री सैयद अब्बास अराघची हाणी सांगले. इराणनं हो म्हत्वाचो उदकामार्ग आडायल्या उपरांत संवसारीक पांवड्यार तेलाचे आनी सैमीक वायूचे दर वाडल्यात. संवसारांतल्या सुमार २० टक्के कच्चे तेल आणि एलएनजी ची वाहतूक ह्या मार्गांतल्यान जाता. इराणाच्या विरोधकां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या जहाजांक ह्या म्हत्वाच्या उदका मार्गांतल्यान वचपाक मेळचे ना अशें इराणाच्या परराश्ट्र मंत्र्यान स्पश्ट केलें. हो वाठार एक युद्धक्षेत्र,आनी आमच्या दुस्मानाच्या आनी तांच्या सहयोगी राश्ट्रांच्या जहाजांक तातूंतल्यान वचपाक दिवपाचे कसलेंच कारण ना अशें ताणें स्पश्ट केलें; मात हेर राश्ट्रांक तो उक्तो आसा.

Mangalore port – 50

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं एलपीजी शिपमेंट आयिल्ल्यान लोकांक दिलासो मेळ्ळा. काल रातीं 8 वरांचे सुमाराक अपोलो ओशन हें एलपीजी जहाज न्यू मंगळूर बंदरांत पावलें आनी त्याच रातीं unloading operations सुरू जालीं. कच्च्या तेलाचे आनीकूय दोन टँकर्स बेगीनुच पावपाची शक्यताय आसा, मात वेळापत्रक अजून निश्चित जावंक ना अशी म्हायती बंदराच्या अधिकाऱ्यांनी dili.

PM  Jewar – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी शेनवारा उत्तर प्रदेशांतल्या जेवरांत नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचें उक्तावण करतले. सुमार 11,200 कोटी रुपया खर्च करून ताची उदरगत केल्या.

नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ हे भारतातल्या सगळ्यांत मोठ्या ग्रीनफिल्ड विमानतळ प्रकल्पांपैकी एक आसा. ह्या विमानतळाचें उक्तावण भारताच्या जागतीक विमान वाहतूक केंद्र जावपाच्या प्रवासांतlo एक म्हत्वाचो वाटचिरो. राष्ट्रीय राजधानी क्षेत्राचे एक मुखेल आंतरराष्ट्रीय प्रवेशद्वार म्हणून कल्पना केल्ले हे विमानतळ देशाच्या विमानतळ मुळावी बांदावळ घटमूट करपाच्या आनी प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय संपर्क सुविधा वाडोवपाच्या दिकेन एक महत्त्वाचे पावल.

दिल्ली एनसीआर वातारा खातीर, इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळाक  पूरक अशे दुसरे आंतरराष्ट्रीय विमानतळ म्हणून नोएडा आंतरराष्ट्रीय विमानतळ विकसित केला.

Rijiju – 60

अस्तंत आशियांत संकश्ट आसून लेगीत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारताची अर्थवेवस्था सामके बरे प्रदर्शन करता अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी  सांगलां. ते आज नवी दिल्लीत एका खाजगी चॅनलान घडोवन हाडिल्ल्या परिशदेंत उलयताले. भारत उर्जा संसाधनां खातीर हेर राश्ट्रांचेर अवलंबून आसा आनी आपल्या उर्जा आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर उपाय काडटा अशें रिजिजू हांणी नमूद केले.

IMD – 70

भारतीय हवामान खात्यान (IMD)  केरल, माहे, कोंकण आनी गोंयांत फाल्यां मेरेन हवामान उश्ण आनी दमट आसपाची शक्यताय uktaylya.